Panaji

Regional News

31 may 2026,7.20pm

सध्या उश्ण हवामान आशील्यान देशांतल्या लोकांनी चडांत चड जतनाय घेवची आनी हे संबंदी वेगवेगळ्या सरकारी खात्यांनी जारी केल्ल्या मार्गदर्शक तत्वांक पाळो दिवचो असो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उलो माल्ला.आयज आकाशवाणीच्या मन कि बात कार्यावळींत त्ये उलायतले.

प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, उश्णतायेक मात करपा खातीर लोकांनी आम पन्ना, ताक, लस्सी, नीर मोर, सांबरम, कोकुम शेरबत , सोल कडी अशीं वेगवेगळीं पेयां पियेवचीं अशें प्रधानमंत्र्यानी सुचयलें.ही पेय एक भारत श्रेष्ठ भारताची भावना दाखयतात. ह्या पेयांचें व्हडलें ब्रँडींग ना, पूण तातूंत पिळग्यांनी चलपी अणभव मुखार आयला अशें श्री मोदी हांणी नदरेक हाडलें.आंब्याचे लागवडींत वांटो घेवपी शेतकारांच्या योगदानाचीय श्री मोदी हांणी तोखणाय केली आनी आंब्याचो हो प्रवास आतां गांवांतल्यान संवसारीक बाजारांत पावता अशें सांगलें. हे शेतकार शेतकी अर्थवेवस्थे खातीर खूब खाशेले आसात अशें तांणी सांगलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आपल्या मान की बात कार्यावळींत गोंयच्या निवृत्त शिक्षकाच्या प्रेरणादायक यत्नांचेर भर दिलो, जाच्या निर्धाराक लागून ताच्या मड्डीतळप - काणकोण थळाव्या वाठारांत बऱ्याच काळासावन चलत आयिल्लो उदकाचो प्रस्न सोडोवपाक मदत जाली.

गोंयच्या मड्डीतळप वाठारांत निवृत्त शिक्षक बालकृष्ण अय्या एक समाजीक आव्हान सेवा मिशनांत रुपांतरीत केलें. थळाव्या कुटुंबांक उदकाच्या उणावाक लागून जावापी त्रास उणो कार्पक काम करपाचें थारायलें. निवृत्ती वेळार मेळिल्ल्या बचतीचो उपेग करून ताणें पयलीं आपल्या घरा लागसार एक बांय खणली आनी उपरांत मागणी वाडली तेन्ना दुसरी व्हडली बांय बांदली.ताच्या यत्नांक लागून निमाणें एक विस्वासपात्र उदकाचो स्त्रोत मेळ्ळो. एक दशका परस चड काळ गांवचे लोक सरकारी उदकाची जोडणी मेळ मेरेन ह्या उदका पुरवणाचेर आदारून आशिल्ले.

लोकामेरेन उदक पावोपाचो वावर करपी मड्डीतळप - काणकोण हांगच्या बाळकृष्ण अय्या हाचो उल्लेख प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मन की बात कार्यावळीत करप ही गोंया खातीर अभिमानाची गजाल आसा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची 134वी मन की बात कार्यावळ आप्न्ये आयकली. देशात उकाड्याच्या ल्हारा सावन जतनाय घेवपाचो सल्लो प्रधानमंत्र्यांनी दिला. बाळकृष्ण अय्या ह्या निवृत्त शिक्षकान मड्डीतळप काणकोण हांगा बायचेर पायपलायन घालून लोकां मेरेन उदक पावयले. गावगिऱ्या वाठारान लेगीत निस्वार्थीपणान सामाजिक कार्य सुरू आसा, हाचे हे उदाहरण आसा. अय्याच्या कार्याची प्रधानमंत्र्यांनी दखल घेवप ही उल्लेखनीय गजाल आसा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

कोकण रेल्वेचे पावसाळी वेळापत्रक १५ जून सावन सुरू जातले आनी ते २० ऑक्टोबर मेरेन लागू उरतले, अशी माहिती कोकण रेल्वेन दिल्या.कोकण रेल्वे महामंडळावतीन पावसाळया आदींचीं कामां नेटान सुरू आसात.त्याच वांगडा, कांय सुवातींनी ट्रॅक दुरूस्त करप, थंयची माती काडप, तसेच रोबलाची मांडणी करप आनी हेर कामां बेगोबेग करपाचे आदेश दिल्यात. हीं सगळीं कामां १४ जून मेरेन पुराय जातलीं आनी ताच्या उपरांतच पावसाळी वेळापत्रक लागू जातले, अशे कोकण रेल्वे सूत्रांनी सांगलां. हवामान बदल आनी पावसाच्या अदमासाखातीर कोकण रेल्वे महामंडळान हवामान खात्या कडेन कायम संपर्क दवरला. हाका लागून पावस पडपाची शक्यताय, चड पावस पडपाची शक्यताय आनी हेर कसलेय बदल आसल्यार, ताचो अदमास बेगोबेग कळीत जातलो, अशे महामंडळान स्पष्ट केलां.

एप्रिल २०२६ ह्या एकाच म्हयन्यांत कोंकण रेल्वे महामंडळान सदच्या तिकेट तपासणे वांगडाच ९३४ विशेश तिकेट तपासणी मोहिमो आंखल्यो. ह्या मोहिमां मदी तिकेट काडी नासताना आनी नेमाभायर प्रवास करपी ३७ हजार प्रवासी सापडले. कोकण रेल्वेचे जनसंपर्क अधिकारी बबन घाटगे हाणी ही माहिती दिली.ह्या प्रवाशांकडल्यान रेल्वेचें भाडें आनी दंडा सयत २ कोटी ९० लाख रुपया एकठांय केले अशी माहिती ताणी दिली. २०२५-२६ ह्या अर्थीक वर्सांत कोंकण रेल्वेन सलग ११,३९४ विशेश तिकीट तपासणी मोहिमो घेतल्यो. ह्या सबंद वर्साच्या मोहिमांनी ४ लाख ९९ हजार ६७५ विना तिकेट आनी नेम मोडपी प्रवासी सांपडले. तांचे कल्यान रेल्वे भाडें आनी दंड मेळून २७ कोटी ६८ लाख रुपया वसूल केले.प्रवासांत खंयचीच आडखळ वा त्रास जावचो

न्हय म्हणून कोंकण रेल्वेन सगळया प्रवाशांक योग्य आनी कायदेशीर तिकेट बाळगूनच प्रवास करपाचें आवाहन केलां.

योग जिविताभिमुख जावपाक घरा-घरांनी योग पावप गरजेचें आसा." अशें प्रतिपादन प्रा. मीनानाथ उपाध्ये हांणी शिरोड्यां केलें.निसर्गाच्या सान्निध्यांत आशिल्ल्या चिकनगाळ शिरोड्या वाठारांतल्या "ओजस्वी जंगल रिसोर्ट" च्या सभामंडपांत बोरी-शिरोडा परिसरांतल्या योग साधकां खातीर आयोजीत केल्ल्या योग आनंद मेळाव्यांत मुखेल सोयरे म्हूण प्रा. उपाध्ये उलयताले. "संतुलीत आहार आनी प्राणायामादी योगाभ्यास करून दुयेंसा मुक्त भलायके भरिल्ल्या जिविताचो आनंद घेयात आनी हेरांकूय आनंद दियात." अशें तांणी फुडें म्हणलें. ह्या वेळार सोयरे म्हूण एम्. आर. एफ. कंपनीचे आदले मुखेल सुरक्षा अधिकारी श्री. एच्. रामचंद्रा, ओजस्वी रिसोर्ट चे धनी श्री. अजय अरूण मिरिंगकार, निवृत्त शिक्षिका सौ. शांती शेट शिरोडकार आनी योगगुरू श्री. जयंत प्रभुदेसाय माचयेर हाजीर आशिल्ले.स्वामी विवेकानंद विद्यालयाचो बाल योगसाधक कु. अंश अत्रिंजय कोसंबे हाणें क्रीडा आनी शैक्षणिक मळार जोडिल्ल्या यशा खातीर ताचो मुखेल सोयऱ्यांच्या हस्तुकीं भोवमान केलो. फाटल्या बऱ्याच वर्सां सावन योगशास्त्राचो प्रचार आनी प्रसार करपी श्री. जयंत प्रभुदेसाय हांची सगळयांनी तोखणाय करुन उपकार मानले. शंखनाद आनी श्री गणेश स्तवनान सुरू जाल्ल्या ह्या मेळाव्यांत योग साधकांनी सामुहीक प्रार्थना आनी श्री हनुमान चालिसेचें पठण केलें.

दिवचलचे एक नामनेचे साहित्यिक रवींद्र फोगेरी ह्यांच्या म्हज्यो दिवचलच्यो यादी या पुस्तकाचो प्रकाशन सुवाळो दिवचलचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये हांचे हस्तुकी जालो .शेटये सभागृहात जाल्या या पुस्तक प्रकाशन सोहळयाक मुखेल सोयरे म्हुण आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये हजर आशिल्ले .तांचे सांगतान खाशेलले सोयरे म्हणून मये मतदार संघाचे आदले आमदार तशेच उद्देजक प्रवीण झांटये हजर आसले. मानेस्तांचे हस्तुकी रवींद्र फोगेरी ह्यांच्या या दुसऱ्या पुस्तकाचे प्रकाशन जालें. ह्यावेळार उलयताना आमदार शेटये हाणीं सांगले की रविंद्र फोगेरी यांचे हे पुस्तक दिवचल शहराच्या इतिहासाचो एक महत्त्वाचो दस्तावेज थारतलो.

रवींद्र भवन साखळी च्या वाटारात आसलेल्या सरकारी नगर वाचनालयात हालीच तीन दिसांचे गीमाळ शिबिर आयोजित केले. शालेय विद्यार्थ्यांखातीर आयोजित केल्या या तीन दिसांच्या उन्हाळी शिबिरात रामकृष्ण गावस हाणीं विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केलें.

दिवचलच्या इनरव्हील क्लबान आमोणें सांखळी हांगसर  बांधिल्या बस स्टॉप शेल्टर चे उक्तावण मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत यांच्या हस्तुकी हालींच जाले. सामाजिक उपक्रम योजनेखाला इनरव्हील क्लब दिवचल हाणीं साखळी मतदारसंघातल्या आमोणें हांगसर जमीनदार मंदार राव सरदेसाई हाणीं दान केल्या जमिनीचेर प्रवासी बस स्टॉप शेल्टर उभारला.

आय पी एल  २०२६ क्रिकेट सर्तींची फायनल  आयज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर , गुजरात टायटन्स   आनी  रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू ह्या पंगडा मधी जातली .आता काय वेळान 7:30 वरांचेर ही मॅच सुरू जातली .

पणजी वेधशाळेन दिल्ल्ये न्हायती प्रमाण १ जुन ते ६ जुने मेरेन राज्यांत हलको त्ये मध्यम स्वरूपाचो पावस पडपाचो अदमास आसा. 2 आनी 3 जुनाक राज्यांत yello alert जारी केला. आज पणजे चडान  चढ  ३५.4  आनी उन्यान उणे २८.8  जाल्यार मुरगाव चडान  चढ  ३५. आनी उन्यान उणे २८.3  नोंद केला